
# द जनरल

जेनेट चार्टर्स, चित्र : मायकल फोरमॅन
कोंकणी अणकार: स्नेहा सबनीस



# द जनरल

जेनेट चार्टर्स, चित्र : मायकल फोरमॅन,
कोंकणी अणकार : स्नेहा सबनीस

# General

Janet Charters

illustrated by

Michael Foreman



templar books
an imprint of Candlewick Press

एका काळार एक जनरल आशिल्लो.






ताचें नांव जनरल जोधपूर आशिल्लें. ताका संवसारांतलो सगल्यांत फामाद जनरल जावपाचो आशिल्लो आनी हेर देशांतल्या जनरलांनी ताच्या फौजाची तोखणाय केल्ली जाय आशिल्ली. ते खातीर तो आपल्या सैनिकांक तांचीं शस्त्रां नितळ करप, आपल्या गणभेसाक फेर्र मारप आनी पदकांक आनी बुटांक पॉलिश मारप ह्या सारकिल्या कामांनी व्यस्त दवरतालो.




दर दिसा, सूर्य उदेलो म्हणटकच, सगल्या सैनिकांक परेड ग्रावंडार हाजीर जावचे पडटाले. आपलो चकचकीत गणभेस घालून ते मार्चपास्टाचो सराव करूंक तयार रावताले.

मार्चपास्ट जातकच, सैनिकांचे साबार गट करताले. रांदपी रांदचेकुडींत जेवण रांदूंक वताले. घोडेस्वार तबेल्यांत वचून आपआपल्या घोड्यांची जतनाय घेताले आनी तांकां खावपा-पिवपाक दिताले.




उरिल्ले सैनीक रायफल रेंजींत शुटींगाचो सराव करूंक वताले, आनी सगले सैनीक आपआपलें काम सारकें करतात काय ना तें अधिकारी पळयताले.



सांज जातकच, कॅम्प शांत जातालो, तेन्ना जनरल जोधपूर रातीं उसरा मेरेन बसतालो आनी हेर जनरलां विशीं आनी तांच्या फौजांनी जिखिल्ल्या फामाद झुजा विशीं वाचतालो. आपूण आनी आपलें फौज केन्ना फामाद जातलीं आनी ते विशीं एक पुस्तक येतलें, हाची तो उमळशिकेन वाट पळयतालो.



एका आयतारा, सकाळ फुडें, जनरल जोधपूर आपल्या देशाची सैर आपल्या धव्या रंगाच्या व्हडल्या घोड्या वयल्यान करतालो. इतल्यांत एक तांबडो रंगाचो कोलो अचकीत रस्त्यार आयलो. घोडो बाबडो भिलो आनी ताणें आपले मुखारचे दोनूय पांय वयर काडले. ते बरोबर जनरल घोSSS करून जमनीर पडलो. घोड्यान थंयच्यान पळ काडली.



जनरल जोधपूराक कांयच मार लागूंक ना. तो मोवशा तणाचेर पडलो. तण सामकें मोव आशिल्लें आनी ताचो वास बरो येतालो. अजाप म्हणल्यार, जनरलाक थंयच्यान हालन दिसना जाले. ताणें तणाचें एक पातें काडलें आनी आपल्या दातां मदीं घालें आनी सूर्य प्रकाशांत आरामांत तणाचेर तो आड पडलो.





खूब वेळा उपरांत, कॅम्पांत परत वचपाक जाय ह्याची याद ताका जाली. कसो बसो तो उठलो आनी कॅम्पा वटेन नेटान चलपाक लागलो.




ह्या मार्गाचेर तो आपल्या घोड्या वयल्यान जायते फावटीं गेल्लो पूण आयज पयलेच फावट ताणें केन्नाच पळोवंक नाशिल्ल्यो गजाली पळयल्यो. कारण दर फावट तो घोड्या वयल्यान नेटान वतालो. ताणें चानयो, सोंशे, मैदानी हुंदीर, साळू आनी जंगलांतले कबूतर आनी मोर, हीं जनावरां आनी सवणीं पळयलीं.





ताणें सवण्यांक गायतना आयकले. चलता चलतां जनरल एका फुलांच्या सुंदर मळयांत पावलो. ताणें केन्नाच इतलो सुंदर दृश्य पळोवंक नाशिल्लो. ताणें केन्नाच चिंतूंक नाशिल्लीं इतलीं सोबीत फुलां थंय आशिल्लीं. एक चित्रकार लेगीत कल्पना करूंक शकना इतले रंग थंय आशिल्ले.

जनरल जोधपूर थंय शांत उबो रावलो आनी सवकास मळयांत भितर गेलो आनी फुलांच्या मदींच बसलो. थंय म्होंवामूस म्होंव तयार करपाक फुलांतले पराग सोदतना ताणें पळयले. एक म्होंवामूस ताच्या नाकार बसतलो अशें ताका दिसले, पूण आपल्या कामांत व्यस्त आशिल्ल्या म्होंवामुसांक फामाद जनरल दिसूंकच ना.







तो खूब वेळ फुलांक आनी म्होंवामुसांक पळयत रावलो. सगलें कितलें शांत आशिल्लें. ह्यो गजाली ताणें पयलीं केन्नाच कित्याक पळोवंक नाशिल्ल्यो काय?

खूब वेळा उपरांत तो उठलो. कांय फुलांचेर तो बशिल्लो हें ताणें पळयलें. तीं दुख्खी दिसतालीं आनी बाविल्लीं. फुलांक सोडून वचूंक ताका जड जालें पूण आपल्या सैनिकां कडेन ताका वचपाकूच जाय आशिल्ले. ताणें दोन फुलां आपल्या बरोबर व्हेलीं.






जनरल जोधपूर कॅम्पांत पावता म्हणल्यार खूब रात जाल्ली. ताणें तीं फुलां एका कपांत उदक घालून आपल्या रूमाच्या जनेला कडेन दवरलीं आनी तो न्हिदपाक गेलो.

दीसभर पळयल्ल्या सगल्या सोबीत गजालींचें सपन ताका पडलें – सवणीं, जनावरां, सूर्य आनी फुलां. इतल्यांत हजारांनी सैनीक लॅफ्ट-रायट-लॅफ्ट करूंक लागले. ते भयानक आवाज करूंक लागले. सगळीं सवणीं आनी जनावरां भिवून थंयच्यान पळळीं. सैनिकांनी फुलां माड्डिल्लीं. जनरल तांबडो गुंज जावन रागान उठलो. “रावात, रावात!” तो नेटान आड्डुलो. पळयत जाल्यार हें तर एक सपन. तो परत न्हिदपाचो यत्न करपाक लागलो, पूण ताका कशीच न्हीद येना जाली.






जायते फावटीं ताणें आनी ताच्या सैनिकांनी हजारांनी सोबीत फुलां माडिल्ल्या आसतलीं आनी कितल्याशांच ल्हान जनावरांक भियेलां आसतले हे तो जाणां आशिल्लो. “हांव परत केन्नाच कोणाकूच दूख दिवचों ना आनी भिवोवचों ना,” ताणें निश्चय केलो. “हांव जनावरांक मदत करपाचो यत्न करतलों आनी फुलां, झाडां आनी हेर गजाली पिकयतलों.”



सकाळीं ताणें आपल्या सैनिकांक फौज सोडून घरा वचात आनी काम करात म्हूण सांगलें. आपलो देश संवसारांतलो सगल्यांत सुंदर देश केल्लो म्हाका जाय अशें ताणें तांकां सांगलें. सगले सामके खुशालभरीत जाले. पूण जनरल जोधपूरा इतलो खूश कोणूच नाशिल्लो.




शेतकार आपलें शेत कसपाक लागले आनी फुडल्या पिका खातीर बियो रुजोवपाक लागले.







सगले नुस्तेकार आपलीं नुस्त्या जाळीं घेवन दर्यांत नुस्तीं धरपाक गेले.




जनरलान बिल्डरांक आदेश दिलो, फौजाचो कॅम्प एका सुंदर शारांत बदलचो.



ह्या शारांत दुकानां आनी शाळा आसचीं. तशेंच भुरग्यांक खेळपाक पार्क आसचे.




ICES



जनरल जोधपूर आपल्या देशांतल्या घडामोडींक लागून सामको उत्साहीत जाल्लो. आपल्या देशांतले लोक कशें काम करतात तें पळोवंक तो दर दिसा शारांत वतालो आनी ताका पळोवन गांवचे लोक खूश जाताले.



पयले फावट फुलां पळयल्लीं त्या जाग्यार तो नेमान वतालो. शीं पडपाक सुरू जाल्लें आनी थंय फुलां आतां नाशिल्लीं. पूण ताका आदीं फुलां आशिल्लो तो वाठार पळोवंक आवडटालो. धर्तरेचेर हात भोंवडावपाक ताका आवडटाले. वसंत रुतूंत फुलां परत परमळटलीं हें तो जाणां आशिल्लो.





शेवटाक शिंयाळी मोसम सोंपलो. फुलां फुलपाक लागलीं. झाडांचेर पाचवींचार पानां येवपाक लागलीं, शेतांनी बियो रुजपाक घातिल्ल्यो ते मातयेंतल्यान रोंप वयर सरपाक लागले.




मके लांब आनी पाचवेचार वाडले, झाडांक फळां लागपाक लागलीं.
सकाळ फुडें नुस्तें पागूंक वतना नुस्तेकार खोशयेचें गीत गावपाक लागले.

एक दीस, जनरल जोधपूराक दोन म्हत्वाचीं पत्रां मेळळीं. एक पत्र संवसाराचे पुर्वे कडल्या फामाद जनरल निकोलाय मारकोविच हांचें आशिल्लें. दुसरें पत्र संवसाराचे पश्चिमे कडल्या तितल्याच फामाद जनरल कस्टर्ड हाचें आशिल्लें. जनरल जोधपूराच्या देशांत घडिल्ल्यो आगळयो-वेगळयो गजाली तांच्या कानार पडिल्ल्यो, त्यो तांकां स्वताच्या दोळयांनी पळोवपाच्यो आशिल्ल्यो.

जनरल जोधपूरान तांकां सोमतेच आपोवणें धाडलें, आपल्या देशांत येयात आनी आमचो देश पळयात म्हूण. जनरल निकोलाय मारकोविच आनी जनरल कस्टर्ड जेन्ना थंय पावले तेन्ना जनरल जोधपूर आनी ब्रास बॅण्डान तांकां येवकार दिलो. उपरांत जनरल जोधपूरान तांकां देशाची सैर करपाक व्हेले.







जनरल जोधपूरान तांकां बागायती आनी रानां दाखयलीं, भाजयो आनी अन्न-धान्यांनी भरिल्लीं शेतां दाखयलीं आनी पार्क आनी मैदान आशिल्लें सुंदर शार दाखयलें.



लोक जनावरांक आपले इश्ट मानतात आनी तांकां केन्नाच भिवयनात वा तांच्या फाटल्यान लागनात हे दोनूय जनरलांनी पळयले. निमाणे, जनरल जोधपूरान तांकां ताणें पयलेच फावट फुलां पळयल्लीं ते सुवातेर व्हेले.

लांबच्या लांब मळयांत फुलांच फुलां आशिल्लीं. फुलां चिड्डुचीं न्हय म्हूण तिनूय जनरल सवकास बसले, आनी एकामेकां पळोवन हांसले. “ही तर बेस बरी कल्पना आसा,” जनरल कस्टर्डान म्हणलें. “तुवें तुज्या देशाक संवसारांतलो सगल्यांत सुंदर देश केला.”




“आनी तुज्या देशांतले लोक निश्चीतच खूश आसतले,” जनरल निकोलाय मारकोविचान म्हणलें. आनी दोगूय म्हणपाक लागले, “जनरल जोधपूर, पुराय संवसारांत तूं सगल्यांत फामाद जनरल.”





आनी पुराय संवसारांतलो सगल्यांत फामाद जनरल आरामात फुलांचेर आड पडलो आनी सुर्याक पळोवन खुशालभरीत जावन हांसलो.



# प्रकाशकाचो नोट

**जेनेट चार्टर्स** (आतां एबीस) हांचो जल्म 1938त इंग्लंडांत जालो, जेन्ना दुसरें म्हाझूज सुरू जावपा आशिल्लें. युद्ध काळ आनी अणू शस्त्रांचे सर्तींक लागून तयार जाल्ल्या अनिश्चीत वातावरणांत वाडटना, जेनेट हांकां शांतीचे नाजूकसाणे विशीं संवेदनशीलताय निर्माण जाली.

**मायकल फोनमॅन** हांचो जल्म 1938 वर्सा इंग्लंडांत जालो. झूज नासतनाचें जग पळोवंक नाशिल्ल्यान झूज म्हणल्यार एक सामान्य गजाल अशें तांकां दिसताले. तीन वर्सांचे आसतना मायकल न्हिदिल्ले कडेन ताच्या बेडरूमाच्या पागेरांतल्यान एक बॉम्ब भितर पडलो – ही तांची पयली याद. थोड्याच अंतरान बॉम्ब चुकलो आनी जमनीर पडून तो वणटेक आपटून उज्याचे चिमणेंत फुटलो. झूज सोंपलें तेन्ना शांतीपूर्ण जगाची कल्पना मायकल हांणी केली. पूण तांची ल्हानपणांतली चडशी जीण अणू झुजाचे सावळेंत गेली.

आपलें पयलें पुस्तक, ***द जनरल,*** हातूंत जेनेट आनी मायकल हांकां आपल्या जगा विशीं संवेदना निर्माण करपी एक मजेशीर आनी जिवंत काणी मुखार हाडूंक जाय आशिल्ली. आतां, सुमार पन्नास वर्सां उपरांत, पुस्तक प्रसंगोचीत आसा. शांतीपूर्ण संवसाराचे गरजे सयत पर्यावरणाक आशिल्लो धोको हांचो उल्लेख हे काणयेंत आसा आनी आतां दोनूय गजाली स्पश्ट तरेन दिसतात.

**जेनेट चार्टरस**

(आतां एबीस) हांचें शिक्षण इंग्लंडांतल्या सेंट मार्टिन्स स्कूल ऑफ आर्ट्स हातूंत जालें, जंय तांची भेट मायकल फोरमॅन ह्या सह-विद्यार्थ्या कडेन जाली. जेनेट आपल्या दोन माजरां सयत सद्या लंडनांत रावता आनी तांचें एक गार्डन आसा. त्यो चित्रकला करता आनी प्रदर्शनांनी दवरता.

**मायकल फोरमॅन**

हे पंदरा वर्सांचे आसतना एक पूर्ण काळ कला विद्यार्थी जाले. इनामां फावो जाल्लीं स्वताचीं चित्र आदारीत पुस्तकां तयार करपा सयत, मायकल हांणी चार्ल्स डिकन्स, ऑस्कर वायल्ड आनी शेक्सपियर सारकिल्या नामनेच्या लेखकांच्या पुस्तकां खातीर चित्रां काडल्यांत.



ही खूब तेंपा पयलींची काणी, एक घमेंडी जनरल आपल्या घोड्यावेल्यान पडलो. तेन्नाच पयलेच फावट ताका आपल्या सरभोंवतणच्या फुलांची सोबीतकाय दिसली. ताणें तेन्नाच जगाक शांती आनी सोबीतकायेन भरपाचो निश्चेव केलो.

आयच्या सुमार पन्नास वर्सां पयलीं – जेन्ना म्हाझूज तेंगशेर आशिल्ले तेन्ना एका जोडप्यान भुरग्यां खातीर नवे तरेचें पुस्तक बरयलें. ह्या पुस्तकांत झुजाचे वायट परिणाम आनी पर्यावरणाच्या नाशा विशीं माहिती दिल्ली. तेन्नाच जॉन एफ. कॅनेडी अमेरिकेचे राष्ट्रपती म्हूण वेंचून आयले आनी त्याच वर्सा ऑगस्टांत बराक ओबामा हांचो जल्म जालो.

इतल्या वर्सांनी लेगीत हें पुस्तक प्रसंगोचीत आसा – हें पुस्तक खरें आमच्या वेळा वयलें आसा.

